राजश्री कामत प्रादेशिक खबरो    07.05.2025 @ 7.25 am

रश्मि 50

पहलगाम जाल्ल्या आकांतवादी हल्ल्या उपरांत देशभरात सुरक्षा यंत्रणा सतर्क जाल्या.केंद्रीय गृह मंत्रालयान सगळ्या राज्याक आनी केंद्रशासित प्रदेशांक आज नागरी संरक्षण मोक ड्रील आयोजीत केला. आज दक्षीण गोंयात मुरगांव वास्को तशेच murgao port authority आनी उत्तर गोयांत पणजे शारात mock drill जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्री तशेंच गृह मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दीली

रश्मि/Sushant 200

जिल्हाधिकारी आणि जिल्हो दंडाधिकारी कार्यालय उत्तर गोवा जिल्हो आपत्ती व्यवस्थापन प्राधिकरण, उत्तर गोवा हाणी आज जावपी "ऑपरेशन अभ्यास" हो सराव.मोक ड्रिला विशी सुचोवणी जारी केल्या

भारत सरकारच्या गृह मंत्रालयाच्या निर्देशांप्रमाण आणि देशव्यापी नागरी संरक्षण तयारी उपक्रमाचो एक भाग म्हणून, गोयात आज ०७ मे क दनपारा ४:०० व रां सावन "ऑपरेशन अभ्यास" नावाचो एक बहु-एजन्सी मॉक सराव आयोजित केला या सरावाचे पर्यवेक्षण उत्तर गोवा जिल्हाधिकाऱ्यां कडच्यान करतले आणि तातुन पोलिस, उजो पालोवपी दळ आणि आपत्कालीन सेवा, भलायकी सेवा, राष्ट्रीय कॅडेट कॉर्प्स, राष्ट्रीय सामाजिक सेवा, जिल्हा आपत्ती व्यवस्थापन प्राधिकरण, उत्तर गोवा, नागरी संरक्षण स्वयंसेवक आणि हेर संबंधित प्रतिसाद एजन्सींचो.समन्वित सहभाग आसतलो. हो मॉक ड्रिल ह्या तीन सुवातीनी करतले

一. इंडियन नॅशनल वॉटरस्पोर्ट्स सेंटर, मिरामार

二. २ पणजी फेरी व्हार्फ आणि मांडवी ब्रिज कोसळपाची नाटकीय स्थिती

三. मेसर्स गोवा ग्लास फायबर लिमिटेड, कोलवाले, बार्देझ तालुका

या सरावाचो प्राथमिक उद्देश नागरी आपत्कालीन परिस्थितीत, विशेषतः स्थलांतर, व्हडा प्रमाणात अपघात व्यवस्थापन, अग्निशमन आणि शोध आणि बचाव कार्य अशा परिस्थितीत नागरी संरक्षण स्वयंसेवकांच्या सहभागान तयारी, प्रतिसाद क्षमता आणि आंतर-एजन्सी समन्वयाचे मूल्यांकन करप आसा . सरावा वेळार सायरन अलर्ट वाजयतले आणि आपत्कालीन प्रतिसाद पंगड नियुक्त केल्या सुवातानी स्पष्टपणान सक्रिय आसतले. जनतेक विनंती की ताणी भियेवचे न्हय, कारण हे उपक्रम पूर्वनियोजित मॉक ड्रिलाचो भाग आसा. ड्रिल सुवातींच्या परिसरात तात्पुरती येरादारी वलोक शकता. नागरिकांनी अधिकाऱ्यांक पुराय सहकार्य करपाचे आणि सोशल मीडिया प्लॅटफॉर्मर असत्यापित माहिती किंवा अफवा पसरवपा पासून परावृत्त करपाची विनंती करता अशे परीपत्रका वरवी आय.ए.एस यशस्विनी बी हाणी आवाहन केला भियेव नाकात. ही फक्त जागृताय करपाक केलो सराव आसा

महेश 120

आज जावपाच्या मोक ड्रील मोहीमेच्या फांटभुयेर एक फटीचो संदेश सध्या सोशल मिडीयाचेर पातळला असलो कसलोच संदेश वा सल्लागार वळेरी भारत सरकारान जारी करूंक ना. हो फटीचो सल्लागार अशे सांगता

प्रिय सगळी.. सीमे वेल्या सध्याच्या तणावपूर्ण परिस्थितीच्या फाटभुयेर आमी सगळ्यांक शांत रावपाचे, सतर्क रावपाचे आणि तुमची सुरक्षितता आणि तयारी सुनिश्चित कर पाक हे खबरदारीचे उपाय कर पाचे आवाहन करता. घराकडे तयार दवरपाक आवश्यक वस्तू:

५०,००० रोख रक्कम,पूरायपणान इंधनान भरलेले वाहन,किमान २ महिन्यांखातीर वखदा,नाशवंत न जावपी अन्न आनी उदकाचो साठो, वीज बॅकअप आसचो,महत्वाचे डोस, आपत्कालीन संपर्कांची यादी, फस्क टॉर्च, बडयो हाची तयारी, चार्ज केलेले फोन तसेच चाकू, टेप तयार दवरप. सगळ्यांक सुरक्षित दवरा. चला सुरक्षित

रावया, एकमेकांक आधार दीवया,भियेवन वचु नाकात. हो अशा तरेचो आयिल्लो संदेश फटीयो आसा हाची भौसांनी नोंद घेवची

तापमान 50

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 35 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 27.4 डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता 80% नोंद जाला. राज्यात फुडले चार दिस 34-27 डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले आणि फुडले चार दिस हवामान वताळ आसले तरिय काय वाठरांनी गडगड मारून पावस पडू येता नुसते मार्याक खास शिटकावणी काय ना वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला

ED 70

अंमलबजावणी संचालनालय (ईडी) न एका व्हड रिअल इस्टेट फसवणुकी प्रकरणात डब्ल्यूटीसी फरीदाबाद इन्फ्रास्ट्रक्चर प्रायव्हेट लिमिटेड आणि हेर संस्थांच्या २ हजार ३४८ कोटी रुपयांच्या मालमत्तेर जप्ती केल्या या मालमत्तेत दिल्ली-एनसीआर, गुरुग्राम, फरीदाबाद, नोएडा आणि गोवा हांगा जमीन आणि विक्री न जाल्या मालमत्तांचो आसपाव आसा. असो आरोप आसा की या समूहाचे मुखेली आशिष भल्ला हाणी गुंतवणुकीचेर खात्रीशीर परतावो दिवपाचे आश्वासन दिवन १२ हजारां परस अधिक गुंतवणूकदारांना फटयील्ले. ताणी निधी वळयलो आणि काय पैसे त्यांच्या कुटुंबातल्या सदस्यांच्या मालकीच्या संस्थांक परदेशात हस्तांतरित केले.

रश्मि 110

रान खात्या वतीन फुडल्या 2 म्हयन्या भितर crocodile population survey करून mapping करतले ,तशेच मानगी आशील्ल्या सुवातींचेर मानगे आशील्लो वाठार म्हण तक्ते लायतले अशी म्हायती रान खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत दील्या. हे शिवाय पावसाचो हंगाम

लागी पावीलल्ल्यान बेब्यांची शीकार जावची न्ही म्हणsave frogs campaign राबयतले. leopard तशेच हेर जनावरांच्या population सर्वे जातलो हे शीवाय 5 जुन ह्या पर्यावरण दीसासांवन गोंयभरात plantation drive सुरू जातले . अशी म्हायती ह्यावेळार मंत्री राणे हांणी दील्या